गोंय सरकार

म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें

पणजी - गोंय

पत्रक

**<u>श्री. कुमारस्वामी गोंय रियल इस्टेट रेग्युलेटरी ऑथरीटीचे अध्यक्ष</u>**

ता. २५ ऑक्टोबर २०१९

०३ कार्तिक १९४१

नगर विकासमंत्री श्री. मिलिंद नाईक हांणी गोंय रियल इस्टेट रेग्युलेटरी ऑथरीटीचे अध्यक्ष म्हुण नेमणूक जाल्ले श्री. एस. कुमारस्वामी, आएएस (निवृत्त) हांका हांलीच पद आनी गुप्ततायेचो सोपूत दिलो.

केंद्र सरकारान रियल इस्टेट रेग्युलेशन एण्ड डेव्हलपमेंट कायदो २०१६ लागू केल्लो आसून ह्या कायद्यातले सगळे नेम २५ मार्च २०१६ सावन गोंयात अमलात आयिल्ले आसा.

रियल इस्टेट, प्लॉट, अपार्टमेंट आनी इमारतीची विक्री कायदेशीर आनी पारदर्शक पणान जावपा खातीर रियल इस्टेट रेग्युलेटरी ऑथरीटी कायद्याची अंमलबजावणी केल्या. गिरायकांच्या हक्काची राखण करप आनी तंटे रोकड्यारोकडे निकालात काडप हो कायद्याचो उद्देश आसा.

नगर विकासमंत्री श्री. मिलिंद नाईक हांणी श्री. एस. कुमारस्वामी हांची गोंय रियल इस्टेट नियमन प्राधिकरणाचेर अध्यक्ष म्हुण नेमणूक जाल्ले खातीर समाधान उकतायला. श्री. कुमार स्वामी हांणी मिझोरम, गोंय, पाँडिचेरी, दिल्ली, तशेंच केंद्र सरकारात वेगवेगळ्या पदांचेर २७ वर्सा सेवा केल्या. गोंय सरकारात ते मजूर, वीज, वित्त, महसूल, हाऊसिंग, आयटी, जीएडी, शिश्टाचार खात्याचे सचीव आशिल्ले.

गोंय रियल इस्टेट रेग्युलेटरी ऑथरीटीचे वांगडी म्हुण श्री. जे. बी. सिंग, आएएस (निवृत्त) हांची नेमणूक जाल्या. श्री. एस. कुमारस्वामी हांणी श्री. सिंग हांका पद आनी गुप्ततायेचो सोपूत दिलो.

श्री. जे. बी. सिंग हांणीय गोंय प्रशासनात जिल्हाधिकारी, अबकारी आयूक्त, कदंब महामंडळ, आयडीसीचे वेवस्थापकीय संचालक, खण संचालक आनी हेर पदाचेर काम केला.

गोंय रियल इस्टेट रेग्युलेटरी ऑथरीटी, स्पेसीस, प्लॉट नं. ४० ब्लॉक नं. १०१, पयलो माळो, इडीसी, पाटो-प्लाझा, पणजी-गोंय हांगाच्या कार्यालयाचो ते रोखडेच ताबो घेतले.

म्हा /सप/ एमएस/ जॉआ/ विगां/ प्रधु/ २०१९/ ७३९

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA